प्रादेशिक खबरो 03.07.2025 @ 7.20 pm

मुखेल खबरो

1 धरती आबा जनभागीदारी अभियान या येवजणेचे आयज साग्या मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत ह्यांचे हजेरेत केंद्रीय आदिवासी कल्याण मंत्री ज्युअल ओरम हाच्या हस्तुकीं उक्तावण जाले.

2 सेगीत पडपी उट्टगरांच्या पावसाक लागून गोंय शिक्षण संचालनालयान 4 जुलैयाक म्हणल्यार फाल्या शुक्रारा शाळाक एका दिसाची सुटी जाहिर केला.

3 न्हंय येरादारी खात्यान रायबंदर-चोडण फेरीबोटी मार्गा खातीर सुदारीत टोल शुल्क आनी म्हयन्याळे पास दर आसतले अशे अधिसुचोवणी काडुन कळीत केला

4 तियात्र माचयेर कॉमेडी क्वीन म्हूण लोकप्रिय आशिल्ल्यो केरोबीना कोस्ता कार्वाल्हो हांकां आयज पिरायेच्या 65 वरसाचेर मरण आयले.

सुशांत 230

देशांतल्या आदिवासी गांवांची उदरगत करपाखातीर केंद्र सरकारान केंद्रीय आदिवासी कल्याण मंत्रालयावतीन ७९ हजार कोटींची तजवीज केल्या अशी म्हायती केंद्रीय आदिवासी कल्याण मंत्री ज्युअल ओरम हांणी दिली.byte
धरती आबा जनभागीदारी अभियान या येवजणेचे आयज साग्या मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत ह्यांचे हजेरेत तांच्या हस्तुकीं उक्तावण जाले. देशात वट्ट ६३ हजार आदिवासी गाव आसात. ह्या गांवांची उदरगत करपाखातीर केंद्र सरकारान वेगवेगळ्यो येवजणो चालीक लायल्यात. तातूंत गोयच्या २५ गांवांचो आस्पाव आसा अशे तांणी सांगलें., आदिवासी लोकांच्यो भलायकीच्यो समस्या, तांची संस्कृती आनी ह□ संबदीत गजालींचो □भ्यास करपा खातीर सांग्यार पयल□आदिवासी संशोधन केंद्र सुरू क□ला. तशेंच फर्मागुडी हांगाचें आदिवासी संग्रहालय रोखड□ पुराय जातल□ सरकारान आदिवासी कारागिरांक कुणबी साडी, शाल, जॅक□ट आनी ह□ उत्पादनांची विक्री करपा खातीर एक माची उपलब्ध करून दिल्ल□आसा. फुडल्या तीन महिन्यांत केंद्र सरकारा कडल्यान 10 कोटी रूपयाखर्च करून सांग्यार कुणबी ग्रामाच□ काम पुर्ण जातल□सरकारान आता म□□ 3500 रान हक्क सनदी दिल्यात. उरिल्ल□रान

हक्क दाव□ निकालात काडपा खातीर सरकारच□ न□ान प्रयत्न चालू आसात. 19 डिसेंबर 2025 म□□ सगळ्यो सनदी दिवपाच□आरायला □शें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

ह्या सुवाळ्याक गोंयचे समाजकल्याण मंत्री सुभाष फळदेसाय, सभापती रमेश तवडकार, राज्यसभा खासदार सदानंद तानावडे, सांगेचे आदले आमदार वासुदेव गावकार तसेच हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. ह्यावेळार मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकीं विद्यार्थ्याक लॅपटॉप, शेतकारांक कृशी कार्ड हेशिवाय रान अधिकार कायद्याखाला जमिनीच्यो सनदी, अटल आसरा, विद्यालक्ष्मी, लाडली लक्ष्मी अशा येवजणांखाली धनादेश आनी मंजुरीपत्रां वांटली. ह्यावेळार कॅन्सर डिटेक्शन आनी डेंटल केअर अशी दोन भलायकी शिबिराय घडोवन हाडिल्ली.

ह्यावेळार उलयताना मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी गोंय सरकारान आदिवासी लोकांखातीर जायती कामां केल्यात. सुमार साडेतीन हजार आदिवासी लोकांक जमिनीच्यो सनदी मेळोवन दिल्यात. ह्या लोकांच्या उदरगतीखातीर आदिवासी म्हामंडळ स्थापन केल्ले आसा. केंद्र सरकाराच्या जन मन येवजणेखाला गोंयांतल्या वानरमारी समाजाकय मुखेल धारेत हाडपाचे काम गोय सरकारान हातात घेतला अशी म्हायती दिली. सभापती रमेश तवडकार हांणी गोंयातल्या आदिवासी कल्याण येवजणाखातीर केंद्र सरकारान १०० कोटींची जाल्यार गोय सरकारान २०० कोटींची तजवीज केल्या अशी म्हायती दिली. तर समाजकल्याण मंत्री सुभाष फळदेसाय हांणी गोंय सरकार गावगिऱ्या वाठारात लोकांक सोयी मेळावन दिवपाखातीर काम करता. गोंयांतल्या दोंगराळ वाठारात ह्या वर्सांअखेर मेरेन उदक, वीज आनी रस्ता तयार करपाचे १०० टक्के उद्दिष्ट पूर्ण जातले अशें सांगलें.

रश्मि 130

सेगीत पडपी उट्टगरांच्या पावसाक लागून गोंय शिक्षण संचालनालयान 4 जुलैयाक म्हणल्यार फाल्या शुक्रारा शाळाक एका दिसाची सुटी जाहिर केला. हे विशी आयज शिक्षण संचालनालयान परीपत्रक काडला. पुर्व प्राथमिक, पासुन प्राथमिक आमनी उच्च माध्यमिकाकातीर ही सुटी आसतली अशे ह्या परीपत्रकात म्हणला. पणजी वेधशाळेन आयज आनी फाल्या राज्यात उट्टगराच्य पावसाच्या फांटभुयेंर ओरेंन्ज अलर्ट जारी केला. हाका लागून शिक्षण खात्यान

फाल्या शाळांक सुटी दिवपाचो निर्णय घेतला. शाळांनी वचपी ल्हान भुरग्यांची सुरक्षीतताय मतींत दवरून, सुटी जाहीर करपाचो निर्णय सक्षम अधिकारीणीन घेतला. ही सुटी फकत विद्यार्थ्यां आनी शिक्षकां खातीर आसा अशेंय ह्या परीपत्रकावरवी स्पश्ट केलां. प्रशिक्षण कार्यावळीक नेमिल्ल्या शिक्षकानी मात प्रशिक्षण थळार वचून कार्यावळ पुराय करची पडटली अशे हांतूत म्हळां. विद्यार्थ्यांनी घरांत रावचे आनी हुंवारान भरिल्ले रस्ते, न्हंयचे देगेर आनी हेर संभाव्य धोक्याची सुवात अशा धोक्याच्या वाठारांनी वचचे न्हय अशे शिक्षण संचालक शैलेश झिंगडे हाणी मागला

रश्मि **140**

न्हंय येरादारी खात्यान रायबंदर-चोडण फेरीबोटी मार्गा खातीर सुदारीत टोल शुल्क आनी म्हयन्याळे पास दर आसतले अशे अधिसुचोवणी काडल्या .7 जुलैसावन सुरु शुल्क सुरु जातले अशे ह्या अधिसुचोवणेत म्हणला. ह्या मार्गाचेर बेगीन दोन रोरो फेरीबोटी वापरतले अशी म्हायती ह्यावेळर खात्यान दिल्या.

सुदारीत वेळापत्रका प्रमाण मोटरसायकलीक येरादारीखातीर तिकीट आसची ना, मात तीन चाकी, चार चाकी वाहनां खातीर दर प्रवासाक 30 रुपया, तशेंच म्हयन्याळ्या पासप्रमाण 900 रुपया,मध्यम वेपारी आनी प्रवासी वाहनांक दर प्रवासाक 100 रुपया जाल्यार म्हयन्याक पासा खातीर 1,500 रुपया, आनी 10 टन सकयल्या जड मोटार वाहनांक दर प्रवासाक 400 रुपया तिकीट प्रती ट्रिप जाल्यार म्हयन्याक पासा प्रमाण म्हयन्याच्या 6 हजार रुपया इतली तिकीट आसतली.

रेन्ट अ बायकाखातीर चाकी गाडयो दर भोंवडेक 100 रुपया, टुरीस्ट टेक्सी खातीर दर प्रवासाक 300 रुपया, ह्या प्रमाण फेरीबोट तिकीट आसतली. नवे दर खासा ह्या मार्गाक लागू जातात, जाल्यार हेर फेरी मार्गांचेर टोल दरांत बदल जावंक ना अशें हे संबंदी जारी केल्ल्या

सुशांत 120

तियात्र माचयेर कॉमेडी क्वीन म्हूण लोकप्रिय आशिल्ल्यो केरोबीना कोस्ता कार्वाल्हो हांकां आयज पिरायेच्या 65 वरसाचेर मरण आयले. भलायकी इबाडिल्ल्यान तांकां गोंय वैजकी म्हाविद्यालय हॉस्पिटलांत दाखल केल्ली.
माजोड्डे ह्या गावात जल्मल्ल्या केरोबीना हांणी सी. आल्वारीस, एम.बॉयर, बाब पीटर, जुझे रॉड, प्रिन्स जेकब ह्या सारक्या जायत्या नामनेच्या कलाकारां वांगडा जायत्या तियात्रांनी काम केलें. पिरायेच्या बाराव्या वर्सा पट्रीक दोरादो हांच्या खेळ तियात्रातल्यान तांणी माचयेर पावल दवरले. पट्रिक दोरादो हांच्याच ‘ओस्तुरी’ ह्या तियात्रात पयलेच खेपे विनोदी भुमिका केली आनी त्या दिसासावन तिका कॉमेडी क्वीन हें नांव मेळ्ळें. केरोबिना हांणी जायत्या तियात्रांनी काम केलां आनी तांच्यो दोन ऑडियो सीडी आनी दोन व्हिडियो सीडी आसात. गोंयां वांगडाच तिणें लंडन, कुवेत आनी बाहरीन हांगा तियात्रांनी काम करून लोकांची तोखणाय मेळयली. गोवा तियात्र अकादेमीचे अध्यक्ष अँथनी बार्बोझा आनी उपाध्यक्ष मार्कुस गोन्साल्वीस हांणी तांच्या मरणाचेर दुख्ख उक्तायलां.

Pm ghana 70

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी आज दनपारा घानाच्या संसदेत उलोवप केले आणि अक्रातल्या भारतीय समुदायाकडे संवाद साधलो. शेती, डिजिटल तंत्रज्ञानसंस्कृती, मानकां, आयुर्वेद आणि पारंपारिक वखदां या क्षेत्रातल्या चार समजीकायेच्यो कबलाती आणि दोनुय देशांमधले संयुक्त आयोग यंत्रणा हाचेर सय जाली. मोदींच्या प्रतिष्ठित राजकारणी आणि प्रभावी जागतिक फुडारपणाची दखल घेत जॉन महामा हाणी तांका घाना - ऑर्डर ऑफ द स्टार ऑफ घाना - हो राष्ट्रीय सन्मान प्रदान केलो. हे वेळार प्रधानमंत्री मोदी हाणी म्हळे

रश्मि 100

The goa athletic association , गोंय खेळा प्राधिकारणाच्या जोडपालवान ७ ते ९ ऑगस्ट ह्या काळात पद्मभुशण मनोहर पर्रीकार यादस्तिक ५६ वी goa state

athletic championship 2025 आयोजित केल्या. हांतुन long jump, high jump, triple jump, shot put, discus throw, javelin throw, hammer throw, relay race, ह्या खेळांचो आसपाव आसतलो.

जाल्यार ही championship –8, 10, 14, 16, 18, 20 वरसा सकयल्या वयोगटासयत, उक्त्या वयोगटाखातीर आयोजित करतले. शाळा , म्हाविद्यालया, खेळांचे क्लब,सरकारी खाती, तशेंच राज्यातल्या हेर खेळगड्याखातीर ही सर्त उक्ती आसा सर्तकानी तांची नोंदणी www.goaathletics.com ह्या संकेतस्थळाचेर करची, फाल्या ४ जुलैयाकसांवन ते २७ जुलैमेरेन नावनोंदणी करपाची मुजत असतली अशे आयोजकांनी कळीत केला.

DIP 70

खेळ आनी तरणाटे वेव्हार संचालनालयान 23 ते 26 जुलय मेरेन हरियाणाच्या कुरुक्षेत्रांत जावपी आंतरराज्य युवा देवाणघेवाण कार्यावळींत वांटो घेवपाक तरणाट्यां खातीर निवड चांचणी घडोवन हाडल्या.गट लोक नाच, गट लोकगीत आनी भाशण हांचे खातीर निवड चांचणी 10 जुलय क मीनेजीस ब्रागांझा इन्स्टिट्यूट, पणजी हांगा जातली. 15 ते 29 वर्सां पिरायेचे तरणाटे हे निवड चांचणे खातीर पात्र आसात. अर्ज फॉर्मा वांगडा पात्रतायेच्यो नेम आनी अटी अधिकृत संकेतथळा चेर उपलब्ध आसात. अर्ज धाडपाची निमाणी तारीक 9 जुलय आसा.

DIP 70

समाजीक न्याय आनी सशक्तीकरण मंत्रालयान 2025 वर्सा खातीर दिव्याग व्यक्तींच्या सशक्तीकरणा खातीर राष्ट्रीय पुरस्कारां खातीर अर्ज मागयल्यात.ह्या पुरस्कारा खातीर ऑनलायन नामांकनां आनी अर्ज स्वीकारपा खातीर राष्ट्रीय पुरस्कार पोर्टल www.awards.gov.in सुरू केलां. दिव्याग व्यक्तींच्या सशक्तीकरणा खातीर उत्कृश्ट वावर केल्ल्या व्यक्तींचो आनी संघटनांचो भोवमान करपा खातीर दर वर्सा 3 डिसेंबराक दिव्याग व्यक्तीं आंतरराष्ट्रीय दिसा राष्ट्रीय

पुरस्कार भेटयतले. ह्या राष्ट्रीय पुरस्कारां खातीर सोपी आणि तर्कशुध्द मार्गदर्शक तत्वां खात्याच्या संकेतथळार निमाणी तारीक 15 जुलय आसा

क्रिकेट 20

क्रिकेटात, बर्मिंगहम्मातल्या एजबॅस्टन हांगा अँडरसन-तेंडुलकर ट्रॉफी मालिकेतल्या दुसऱ्या कसोटी खेळात भारता इंग्लंड आड पाच बाद ३१० धावण्यो केल्यो.

IMD 55

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान **27.** डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान **22.8** डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले सात दिस काय वाठरांनी व्हडा प्रमाणात पावस पडू येता वारे वराक **30** ते **40**किलो मिटर वेगान व्हावतले ताचो वेग **50** किलोमीटर इतलो वाडू येता देखून नुसते मारानी हे काळात खोल दऱ्यांत वचचे न्ही अशे वेधशाळेन कळीत केला